**Aakashvani Panaji National news 8.40 am 23ed November 2025**

Modi

काल दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गांत जी-20 फुडाऱ्यांच्या शिखर सभेच्या उक्तावण दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संवसारीक उदरगतीच्या उद्देशान स नवे उपक्रम प्रस्तावीत केले. तातूंत जागतीक पारंपारीक ज्ञान भंडार, आफ्रिका कौशल्य गुणक कार्यावळ, जागतीक भलायकी जतनाय प्रतिसाद पंगड, वखदां-आतंकवादाक आडावपाचेर , मुक्त उपग्रह डेटा भागीदारी आनी गंभीर खनिज परिपत्रक उपक्रम स्थापन करप हांचो आस्पाव जाता. शिखर सभेच्या उक्तावण दिसा दोन अधिवेशनांक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , ह्या उपक्रमांनी भारताची वाड आनी उदरगत जातली अशे सांगला. समावेशी आनी शाश्वत अर्थीक वाडीचेर पयल्या अधिवेशनांत उलयतना प्रधानमंत्री हांणी, जी-20 जागतीक पारंपारीक गिन्यान भंडार फुडल्या पिळग्यांच्या फायद्या खातीर मनीसपणाच्या सामुहीक बुद्धीचो उपेग करतलो अशे सांगले . तशेंच जी-20 जागतीक भलायकी सेवा प्रतिसाद पंगड स्थापन करपाचो प्रस्ताव तांणी मांडला, जातूंत जी-20 देशांतल्या दरेका देशांतले भलायकी तज्ञ आसतले आनी संवसारांतल्या खंयच्याय भागांतल्या जागतीक भलायकी आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर ताची नेमणूक करूं येता. तशेंच घुंवली वखदांचा वेव्हाराचें आव्हान पयस करपा खातीर आनी तांची अर्थवेवस्था मोडपा खातीर जी-20 इनिशिएटिव्ह ऑन काउंटरिंग द ड्रग-टेरर नेक्ससाची सुचोवणी तांणी केल्या. 'एक लवचीक संवसार' ह्या विशयाचेर दुसऱ्या अधिवेशनांत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी क्रिटिकल मिनरल्स सर्कुलरिटी इनिशिएटिव्ह तयार केल्ल्यान, शारी खण, दुसरें जिवीत बॅटरी प्रकल्प आनी संबंदीत नवनिर्माणाक चालना मेळटली असो प्रस्ताव मांडलो. मुक्त उपग्रह डेटा भागीदारीचेर तांणी, ह्या कार्यावळी वरवीं जी-20 अंतरिक्ष एजन्सींचो उपग्रह डेटा विकसनशील देशांक खास करून जागतीक दक्षिणेक, शेतकी, नुस्तेमारी, आपत्ती वेवस्थापन, हेर कार्यावळीं खातीर उपलब्ध करतले अशे

कळायला . दुसऱ्या अधिवेशनांत प्रधानमंत्री  मोदी हांणी भारताच्या जी-20 अध्यक्षपदाच्या काळांत आपणायिल्ल्या अन्न सुरक्षा विशींच्या दक्कन तत्वांचेर भर दिवन जागतीक अन्न सुरक्षा घटमूट करपा खातीर हवामान अजेंडेचेर चड सामुहीक कारवाय करपाचोय उलो मारलो.

-------------------------------------

**शेखर कपुर IFFI**

Artificial intelligence (AI) चो उपेग आता सगळ्याच मळार जावपाक लागला,तसोच ताचो प्रभाव आता  सिनेमा मळार लेगीत व्हडा प्रमाणात जाता .मात  AI human emotion व्यक्त करपाक शकना.AI हे एक तंत्रगिन्यान ताचो उपेग कामात सोपेपणा हाडपाक हे तंत्रगिन्यान आयला अशे मत  iffi चे festival director शेखर कपुर हांणी म्हणला.जाल्यार AI चो फुरारात सिनेमात चडान चड उपेग जातलो .ताचो उपेगाची सुरूवात जाल्या.धावत्या काळातले जगात AI ही फुडाराची गरज जाव येता अशे मत  berlin ची festival director tricia tuttle हिणे म्हणला. iffi च्या in conversation विभागात do we need to redifine cinema in world of AI ह्या विशयाचेर संबंधित मानेस्त उलयताले.AI तंत्रगिन्यान मात सिनेमा मळार नवीन आव्हाहना तयार करतले .तशेंच फुडारात मोबायलात लेगीत सिनेमा सहज तयार करप AI च्या मजतीन तयार जातले.सिनेमा वांगडाच शेती पिसुन नितळसाण आनी हेर मळार AI चो उपेग जायत जिल्यार समाजात व्हड बदल जांवक शकता अशे मत  ह्यावेळार दोन्हुय मानेस्तांनी व्यक्त केला.

-------------------------------------

SIR

गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नागरिकांक गणना फॉर्म सादर करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर एसआयआर 2026 रील सर्त जाहीर केल्या. सहभागी ह्या उपक्रमाची प्रचार करपी 60 ते 90 सेकंदांचो इंस्टाग्राम रील

तयार करूंक शकतात आनी सीईओ गोवा हँडल टॅग करून पोस्ट करूंक शकतात. रील  डीएम वरवीं धाडचो पडटलो, आनी नोंदी फकत भौशीक खात्यांतल्यान 25 नोव्हेंबर 2025 मेरेन उक्ती आसात. ₹10,000, ₹5,000 आनी ₹3,000 रोख इनामां दितात, तशेंच दोन प्रोत्साहन दिवपी  पुरस्कारय आसात. राज्यांत मतदारांचे सहभाग घटमूट करपा खातीर सृजनशीलताय आनी सोशल मिडियाचो उपेग करपाचो हे मोहिमेचो  हेतू आसा.

--------------------------------------

Brazil

ब्राझीलांत संयुक्त राश्ट्रांच्या हवामान परिशदेंत संवसारीक फुडाऱ्यांनी संकश्टाचेर उपाय काडपाचो यत्न केल्ल्या कबलातीक मान्यताय दिल्या, पूण हवामान बदल घडोवन हाडपी जीवाश्म इंधन पांवड्यार  काडून उडोवपाचो उल्लेख ह्या करारांत ना. जीवाश्म इंधन पांवड्यार बंद करपा विशीं ब्राझीलाच्या बेलेम शारांत दोन सप्तकां चलपी सीओपी30 शिखर सभेच्या अपेक्षीत बंदा परस बरीच पयस, रातभर वाटाघाटी पातळ्ळ्या उपरांत हो मजकूर मान्य जालो.

--------------------------------------

South Africa

दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गांत जाल्ल्या जी-20 शिखर सभेंत फुडाऱ्यांनी अमेरिकेचो विरोध आसून लेगीत एकमतान संयुक्त घोशणापत्र आपणायलें. एकचार, समता आनी शाश्वतपण  हे समावेशक जागतीक वाडीचे  गरजेचे खांब आसात हाचेर घोशणापत्रांत भर दिला. एकूणचाळीस  पानांच्या ह्या दस्तावेजांत उर्जा सुरक्षा, हवामान कृती आनी आपत्ती लवचीकपणाचेर भर दिलो आनी तेच बरोबर वाडत वचपी भूराजनीतीक तणाव, संघर्श आनी खोलायेन जावपी असमानताय अर्थीक स्थिरतायेक धोको अशें मान्य केलां.

--------------------------------------

India canada

भारत, ऑस्ट्रेलिया आनी कॅनडा हांणी नवी त्रिपक्षीय चौकटी जाहीर केल्या- गंभीर आनी उदरगतशील तंत्रगिन्यानांत सहकार्य वाडोवपा खातीर ऑस्ट्रेलिया-कॅनडा-भारत तंत्रज्ञान आनी नवनिर्माण (एसीआयटीआय) भागीदारी. काल जोहान्सबर्गांत जाल्ल्या जी-20 शिखर सभेक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानी आनी कॅनडाचे प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांचे मदीं जाल्ले बसके उपरांत ही घोशणा जाल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी , ही भागीदारी मुखेल तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण क्षेत्रांत सहकार्याचो विस्तार करपाक मदत करतली अशे सांगलें

-----------------------------------

Epfo

कर्मचारी प्रॉव्हिडेंट फंड ऑर्गनायझेशन (ईपीएफओ), प्रादेशिक कार्यालय मुंबय किल्ल्यान शुक्रारा मुंबयच्या मैत्री भवनांत चामडें आनी पांयतणां क्षेत्रांतल्या आस्थापनां खातीर जागृताय आनी प्रसार कार्यावळ घडोवन हाडली. हो उपक्रम प्रधानमंत्री विकसित भारत रोजगर येवजणेचो (पीएमव्हीबीआरवाय) आनी कर्मचाऱ्यांची नोंदणी येवजण 2025 चो एक भाग आसा.अमित जैन, प्रादेशिक पीएफ आयुक्त-। हांच्या फुडारपणा खाला हो कार्यक्रम जालो आनी तातूंत वेगवेगळ्या आस्थापनांचे प्रतिनिधी, कर्मचारी, ईपीएफओ अधिकारी, आनी काउन्सिल फॉर लेदर निर्यात (सीएलई)चे वांगडी हाजीर आशिल्ले.

-----------------------------------

Session

संसदेच्या शिंयाळ्या अधिवेशनांत सरकार संविधान 131 दुरुस्ती विधेयक 2025 मांडपाची शक्यताय आसा. अंदमान आनी निकोबार जुंवे, लक्षद्वीप, दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीऊ, आनी पुडुचेरी अशा विधीमंडळ नाशिल्ल्या

हेर केंद्रीय प्रदेशांकडेन जुळोवन, भारताच्या संविधानाच्या कलम 240 त चंडीगढाचो आस्पाव ह्या विधेयकांत केला. संविधानाच्या कलम २४० प्रमाण अंडमान आनी निकोबार जुंवे, लक्षद्वीप, दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीयू ह्या सारक्या कांय संघराज्य प्रदेशांचेर शांतताय, प्रगती आनी प्रभावी शासन हांचेखातीर नेम करपाचो अधिकार राश्ट्रपतीक दिला. संसदेचें शिंयाळी अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखेक सुरू जावपाचें आसा आनी तें 19 डिसेंबर मेरेन चालू आसतलें.

-------------------------------------

Sikkim

सिक्किमांत  अपेक्षा आशिल्ल्या सेवोक - रोंगो रेल्वे मार्गाचे पंच्यायशी  टक्के काम आतां मेरेन पुराय जाला . आकाशवाणी न्यूज गँगटोक टॉक शौंत वांटो घेवन ईशान्य शिमो रेल्वेचे मुखेल जनसंपर्क अधिकारी कपिन्जल किशोर सर्मा हांणी भौगोलिक आनी पर्यावरणीय आव्हानां आसून लेगीत प्रकल्पाची प्रगती खूब बरी आसा अशी म्हायती दिल्या.  सरमा हांणी  ह्या प्रकल्पाची वट्ट लांबाय 45 किलोमीटर आसा आनी वट्ट लांबायच्या श्यायशी  टक्के बोगद्यांचो आस्पाव आसा . प्रकल्पांत वट्ट 5 स्टेशनां आनी 22 पूल आसात आनी 19 पूल बांदपाचें काम पयलींच पुराय जालां अशें तांणी सांगलें.  डिसेंबर 2027 मेरेन हो सगळो प्रकल्प पुराय जावपाची अपेक्षा आसा. आनीक दोन प्रकल्पांचें सर्वेक्षण रेल्वे वरवीं चालू आसा तातूंत  एक गँगटोक शाराक रेल्वे वरवीं जोडपाचो आनी दुसरो मेल्ली ते दंताम हांचे मदलो रेल्वे मार्गाचो आस्पाव जाता.

-------------------------------------

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या तीन ते चार दिसांत ईशान्य भारत आनी उत्तर प्रदेशात  उथळ ते मध्यम धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच आयज

अंडमान आनी निकोबार जुंवे, केरळ आनी माहे, लक्षद्वीप आनी तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा  व्हड प्रमाणांत पावस, गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

-------------------------------------

sports

हॉकींत आयज मलेशियाच्या इपोहांत जावपी 31व्या सुलतान आझलान शाह करंड सर्तीच्या सुरवातीच्या मॅचींत भारतीय दादल्यांचो पंगड दक्षिण कोरिया आड खेळटलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 1:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

-------------------------------------